**भरती प्रक्रियेतल्या पारदर्शकतेक लागून लोकांचो सरकारा वयलो विस्वास मजबूत जाला-मुख्यमंत्री**

ता. 17 जुलय 2025

भरती प्रक्रियेतल्या पारदर्शकतेक लागून लोकांचो सरकारा वयलो विस्वास मजबूत जाला, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पाटो पणजी हांगा गोंय कर्मचारी निवड आयोगाच्या नुतनीकरण केल्ल्या कार्यालयाचे उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें. जे उमेदवार विविध पदांखातीर स्पर्धात्मक परिक्षेक बसतात, ते आता परीक्षा हॉलातल्यान भायर येवचे पयली लेगीत आपलो निकाल पळोवपाक शकतात, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

सगळ्यां सरकारी खात्यांक भरती प्रक्रियेक पाळो दिवन गरजे प्रमाण भरती करपाचो आदेश सरकारान दिल्लो आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

मुख्य सचीव आनी गोंय कर्मचारी निवड आयोगाचे अध्यक्ष डॉ. व्ही. कांदवेलू, आयोगाचे वांगडी नारायण सावंत, सचीव शशांक ठाकूर, दौलत हवालदार आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें. आयोगा खातीर लोगो तयार केल्ले आर्टिस्ट सिध्दार्थ गायतोंडे हांचो ह्या वेळार सत्कार केलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/618

--
-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.